Panaji National 4th January 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं वाराणसींत जावपी 72वे राष्ट्रीय व्हॉलीबॉल सर्तीचें उक्तावण करतले.

- तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांक लागून 2029 मेरेन सत्र न्यायालय ते सर्वोच्च न्यायालय मेरेन वेळार न्याय मेळटलो अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें.

- परराश्ट्र मंत्रालयान हालींच्या घडामोडींच्या फाटभुयेर, भारतीय नागरिकांक व्हॅनेझुएलाचो सगळो अनावश्यक प्रवास टाळपाचो सल्लो जारी केला.

- शेतकारांचें जिवीत सोंपें आनी सुरक्षीत करप हो सरकाराच्या धोरणांचो मुखेल हेत आसा अशें केंद्रीय रसायन आनी सारें मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी सांगलें.

- न्यूझीलंड आडच्या तीन एकदीसच्या खेळां माळेखातीर भारतीय पंगड जाहीर. शुबमन गिल 15 वांगड्याच्या पंगडाचे फुडारपण करतलो.

PM Varanasi –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं 72वे राष्ट्रीय व्हॉलीबॉल सर्तीचें उक्तावण करतले. ही सर्त 4 ते 11 जानेवारी मेरेन वाराणसींतल्या डॉ. संपूर्णानंद खेळां स्टेडियमात जातली. उक्तावण सुवाळ्याक उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाजीर आसतले.
ह्या सर्तींत 1 हजारां वयर खेळगडे वाटो घेतले.

PM Buddha –
भगवान बुद्धांचे ज्ञान आणि तांणी दाखयल्लो मार्ग पुराय मानवजातीखातीर आसा आनी तांचे पवित्र अवशेष फक्त पुरातन वस्तू नासून देशाच्या सन्मान्य दायजाचो एक भाग आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. हे आपल्या संस्कृतीचो अविभाज्य घटक आसा अशें तांणी म्हळें. प्रधानमंत्री मोदी हांणी काल नवी दिल्लीत राय पिठोरा सांस्कृतीक संकुलांत भगवान बुध्दा संबंदीत पवित्र पिप्रहवा अवशेशांचें भव्य आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें. ह्या प्रदर्शनाचें नांव “द लायट अँड

द लोटस: रेलिक्स ऑफ द अवेकेंड वन" अशें आसा. तशेंच तांणी प्रदर्शनाच्या कॅटलॉगाचें अनावरण केलें.

Shah –

तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांक लागून 2029 मेरेन सत्र न्यायालय ते सर्वोच्च न्यायालय मेरेन वेळार न्याय मेळटलो अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें. अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर श्री विजयपुरमात गृह मंत्रालयाचे संसदीय सल्लागार समितीचे बसकेची येजमानकी तांणी चलयली. त्या वेळार ते उलयताले. शाह हाणी अधोरेखित केले की, हे नवे फौजदारी कायदे तपास प्रक्रियेक गती दिता आनी दोषसिद्धीचे प्रमाण वाडत आसा. गृह मंत्रालयान २०१९ सावन संसदीय सल्लागार समितीच्यो १२ बसका घेतल्या आनी तांचे सकारात्मक परिणाम दिसून आयल्यात अशें तांणी मुखार सांगले. 2021 वर्सा देशांत मोबायल फॉरेंसिक लॅबोरेटरी नाशिल्ली, पूण आतां तांची संख्या 1 हजार जाल्या अशें शाह हाणी नमूद केले. 2029 मेरेन देशांतल्या दरेका राज्यांत फॉरेन्सिक विद्यापीठ वा केंद्रीय फॉरेन्सिक प्रयोगशाळा आसतली अशें गृहमंत्री शाह हांणी सांगलें.

MEA -

परराश्ट्र मंत्रालयान हालींच्या घडामोडींच्या फाटभुयेर, भारतीय नागरिकांक व्हॅनेझुएलाचो सगळो अनावश्यक प्रवास टाळपाचो सल्लो जारी केला. खंयच्याय कारणाक लागून व्हॅनेझुएलांत आशिल्ल्या सगळ्या भारतीयांनी सामकी जतनाय घेवची, तांची हालचाल मर्यादीत दवरची आनी कराकसांतल्या भारतीय दूतावासाच्या संपर्कांत रावपाचो सल्लो दिला.

Maoists –

बंदी घालल्या सीपीआय (माओवादी) संघटनेच्या पीपल्स लिबरेशन guerilla आर्मीच्या बटालियन कमांडरसयत एकूण २० माओवाद्यांनी हैदराबादात तेलंगणा पुलीस महासंचालक शिवधर रेड्डी हांच्या समोर आत्मसमर्पण केले.

बटालियन कमांडर बडसे सुक्का ऊर्फ देवा आणि तेलंगणा समितीचे सदस्य कंकनाला राजी रेड्डी संयत आनीकूय १८ माओवाद्यांनी आत्मसमर्पण केले.

Nadda –
शेतकारांचें जिवीत सोंपें आनी सुरक्षीत करप हो सरकाराच्या धोरणांचो मुखेल हेत आसा अशें केंद्रीय रसायन आनी सारें मंत्री जे.पी.नड्डा हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या चिंतन शिबिरात उलयतना तांणी गरजेची आयात करपा बरोबरच अंदूं देशांत विक्रमी साऱ्याचें उत्पादन मेळोवपा खातीर सरकारान चालीक लायिल्ल्या शेतकार अनुकूल उपायांचेर भर दिलो. साऱ्याचो समतोल वापर आनी बिगर शेतकी कामां खातीर सारें वळोवप वा गैरवापर अशा समस्यांचेर उपाय सोदपाचो सरकार यत्न करतले अशें तांणी फुडें सांगलें.हे चिंतन शिबीर 2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपाक उपेगी पडपी कल्पनांची निर्मिती करपाक मदत करतले अशें ह्या वेळार उलयतना राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें.
GRAM –
आकाशवाणीन गोंयच्या सावैवेरे-वाघुर्मे ग्राम पंचायतीच्यो सरपंच शोभा पेरणी हांचे कडेन VB G RAM G कायद्याच्या फायद्या विशीं खासा उलोवप केले. मनरेगा जाग्यार चालीक लायिल्लो हो नवो कायदो गावांच्या विकासाक गती दिवपाक मजत करतलो अशें तांणी सांगलें. आदल्या कायद्या प्रमाण वर्साक 100 दीस रोजगाराची तरतूद आशिल्ली, जाल्यार नव्या कायद्या प्रमाण ही तरतूद 125 दिसां मेरेन वाडयल्या अशी म्हायती तिणें दिली. Byte -31 secs

ECI –
वेचणूक आयोगान सगळ्या नागरिकांक ECINet ॲप डाउनलोड करपाचे आनी ते आनीकूय सुधारपा खातीर ह्या ॲपातल्या 'Submit a Suggestion' टॅबचो वापर करून आपल्यो सुचोवण्यो दिवपाक सांगला. नागरिक ह्या म्हयन्याचे 10 तारखे मेरेन आपल्यो सुचोवण्यो सादर करूं शकतात. ECINet ॲप हे नागरिकांखातीर एक एकीकृत ऐप आसा, जातूंत ह्या आदीचे Voter Helpline App, cVIGIL, Saksham, Polling Trends आणि Know Your Candidate App यांसारके सुमारे ४० स्वतंत्र वेंचणूक विशींचे ॲप्स एकाच इंटरफेसात एकीकृत केल्यात. ECINet हे मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणाखाला आयोगान हातांत घेतिल्ल्या मुखेल उपक्रमांपैकी एक आसा.

Vaishnaw –
भारतान तंत्रगिन्यानाच्या मळार बरीच प्रगती केल्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. देशांतल्या तंत्रीक उदरगतींत 4जी आनी 5जी नेटवर्क, सेमीकंडक्टर चिप, आनी दूरसंचार उपकरणांतली व्हडली उदरगत हांचो आस्पाव आसा अशें वैष्णव हांणी सांगलें. अटल बिहारी वाजपेयी आनी श्रीकांत शंकर जोशी हांच्या उगडासात काल नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या "पंच परिवर्तन" कार्यावळींत ते उलयताले.
Purnima –
प्रयागराजात संगमाचेर काल पौष पुनवेच्या पावन स्नानान ४३ दिसांचो माघ मेळा सुरू जालो. भाविकांनी काल सकाळी सावन पवित्र स्नान करपाक सुरुवात केली.माघ मेळा प्राधिकरणाच्या माहितीप्रमाण, काल सांजवेळा 4 मेरेन 21 लाख 50 हजार भक्तांनी संगमांत पवित्र स्नान केल्ले.
IMD –
भारत हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसां खातीर दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तर प्रदेश, बिहार आनी ओडिशात दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, राजस्थान, छत्तीसगढ, झारखंड, अस्तंत बंगाल, मध्य प्रदेशात दाट धुकें पडटले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.
Cricket –
भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळा (BCCI) काल ११ जानेवारीपासून सुरू जावपा आशिल्ल्या न्यूझीलंड आडच्या तीन एकदीसच्या खेळां माळेखातीर भारतीय पंगडाची घोशणा केली.ह्या माळे खातीर शुबमन गिलाची कर्णधार आनी श्रेयस अय्यरची उपकर्णधार म्हणून नेमणूक केल्या. फाटल्या वर्सा ऑस्ट्रेलिया भोंवडे वेळार दुखापत जाल्ल्या उपरांत श्रेयस अय्यर पंगडात परतून आयला. येता त्या टी-20 माळे खातीर आनी टी-20 विश्वचषका खातीर इशान किशनाची जरी निवड जाल्या तरी ऋषभ पंतान आपली सुवात तिगोवन दवरल्या. विराट कोहली आनी रोहित शर्मा हांचोय ह्या पंगडांत आस्पाव आसा.

KKR –

कोलकाता नाईट रायडर्स (KKR) पंगडांन बीसीसीआयच्या सूचनेप्रमाण बांगलादेशचो वेगवान गोलंदाज मुस्ताफिझूर रहमानाक आयपीएल पंगडांतल्यान भायर काडलो. हाचे आदीं ह्या निर्णयाची पुष्टी करतना फ्रँचायजीन निवेदनांत सांगिल्लें की आयपीएल नेमा प्रमाण केकेआराक पर्यायी खेळगड्यांक घेवपाची परवानगी मंडळान दिल्या. बीसीसीआयचे सचिव देवजित सैकियान ह्या निर्णयाची पुष्टी केल्या. डिसेंबरांत जाल्ल्या मिनी लिलावा वेळार रहमानाक केकेआरान 9.20 कोटी रुपयांक घेतिललो आनी आयपीएलाच्या इतिहासांत बांगलादेशी खेळगड्या खातीर आतां मेरेनची हि सगळ्यांत चड रक्कम आशिल्ली.